Human Capital Management, Central Office

**RECRUITMENT NOTIFICATION 2024-2025**

**सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/ वा उपकर्मचाऱ्यांची भरती 2024-25**

सेंट्रल बँक ऑफ इंडिया, (हाचे फुडें बँक अशें म्हण्टात) ही 1911 वर्सा स्थापन जाल्ली, सेगीत ११२ वर्सा राष्ट्राची सेवेत वावर करपी एक भौशीक क्षेत्र बँक, हय. ह्या बँकेचे मुखेल कार्यालय मुंबयत आसा, जाच्यो शाखा पुराय देशांत पातळयात. सेंट्रल बँक ऑफ इंडिया, सर सोरबजी पोचखानावाला हाच्या सपनातल्यान तयार जाल्ली बँक, जी पुरायपणान भारतीयांच्या मालकी आनी वेवस्थापन आशिल्ली देशातली पयलीच वेपारी बँक. सेंट्रल बँक ऑफ इंडिया सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचाऱ्यांच्या आनी/वा उपकर्मचाऱ्यांच्या पदांच्यो रित्यो सुवाती भरपाखातीर पात्र आनी इत्सुक उमेदवारांकडल्यान अर्ज आपयता.

ही भरती अधिसुचोवणी बँक आनी अखिल भारतीय सेन्ट्रल बँक कर्मचारी महासंघ (एआयसीबीईएफ) हांचे मदीं 09.08.2012 दिसा जाल्ल्या निवाडो निवेदनाच्या मुखावयली धेप आसा, जी 08.07.2019 दिसा, २०१८ च्या रिट याचिका क्रमांक 8275 (संदीप प्रहलाद इंगोले आनी हेर विरुद्ध सेंट्रल बँक ऑफ इंडिया आनी हेर) यांत मुंबय उच्च न्यायलय (नागपूर खंडपीठ) च्या निर्णया प्रमाण आनी आदेशा प्रमाण चालीक लावपाचे निर्देश दिल्यात जाची सर्वोच्च न्यायालयान 13.07.2023 जारी केल्ल्या २०२३ वर्साच्या दिवाणी अपील क्रमांक 2760-2761 सेंट्रल बँक ऑफ इंडिया विरुद्ध संदीप प्रह्लाद इंगोले आनी हेर) च्या आदेशांत पुष्टी आनी स्पश्ट केल्यात.30.08.2023 दिसा काडिल्ल्या आदेशाप्रमाण २०१९ रिट याचिका क्रमांक 14281 (विलास आगाजी पवार आणि हेर. विरुध्द. युनियन ऑफ इंडिया आणि हेर.), मुंबई उच्च न्यायालयान (औरंगाबाद खंडपीठ) नागपूर खंडपीठाच्या 08/07/2019 च्या निर्णयाची नोंद घेवन रिट याचिकाचो निवाडो दिलो आनी बँकेक तीच प्रक्रिया आपणावपाचे निर्देश दिले.

मात, जेन्ना बँकेच्या 19.12.2023 दिसा आयिल्ल्या जायरातीक मुंबई उच्च न्यायालय (औरंगाबाद खंडपीठ) मुखार आव्हान केलें, तेन्ना उच्च न्यायालयाने ती रद्द करून ती कडेक दवरली आनी जायरात उजवाडाक हाडपाचे निर्देश दिले. ज्या वेगवेगळ्या राज्यांनी याचिकादारांसारके सफाई कर्मचारी/कॅज्युअल/तात्पुरते म्हण काम करता, त्या राज्यांनी फकत एक फावट, जायरात फाकत इंग्लिशीतल्यानूच न्हय जाल्यार प्रत्येक राज्यांत लागू आशिल्ल्या थळाव्या भाशेंतल्यान ही जायरात उजावडावपाची खात्री करून, संबंदीत दरेका आस्थापन आनी शाखेच्या स्पश्ट सुवातेर आनी नोटीस फलकाचेर फळयो दवरच्यो अशे मार्गदर्शन केलें.

उच्च न्यायालयान 12.01.2024 दिसा दिल्ल्या निर्णय आनी आदेशांत 2024 रिट याचिका क्रमांक 379 (विलास अगाजी पवार आनी हेर विरुद्ध युनियन ऑफ इंडिया आनी अन्य हेर) प्रमाण One-time exercise म्हळयार फकत एकूच फावट करपाचो प्रयोग ह्या उतरावळीचो शब्दशः अर्थ दिवचो आनी ह्या आदेशाचो 08.07.2019 दिसा नागपूर खंडपिठ, 13.07.2023 सर्वोच्च न्यायलय, आनी 09.08.2012 दिसाच्या निवाडो निवेदनाक संदर्भ दिलो.
नागपूर खंडपिठ आनी सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्देशां मदीं आनी मानादीक मुंबय उच्च न्यायालयाच्या (औरांगाबाद खंडपिठ) 12/01/2024 दिसा निमाणे सांगिल्ल्या निर्देशां मदीं कांय संघर्श जावं येता असो भंय उत्तावन बँकेन 2024 वर्साच्या **एसएलपी (सी)** क्रमांक 8130 वरवीं सर्वोच्च न्यायालयांकडेन संपर्क सादलो.
पुण 16.04.2024 दिसा आपल्या आदेशा प्रमाण सर्वोच्च न्यायालयान ही **एसएलपी** मान्य करपाक न्हयकार दिलो, मात खंयच्याय अर्थाचो विरोध जावचो न्हय म्हण सर्वोच्च न्यायालयान फुडे दिल्लेप्रमाण स्पष्ट केले की: "*सेंट्रल बँक ऑफ इंडिया आनी हेर विरुद्ध संदीप प्रल्हाद इंगोले आनी हेर ह्या नांवान 2023 वर्साच्या दिवाणी अपील क्रमांक 2760-2761 त पास जाल्ल्या ह्या न्यायालयाच्या 13.07.2023 दिसा दिल्ल्या आदेशाक खऱ्या अर्थान आनी भावनांनी पाळो दितले हें लक्षांत घेवचें*"
ते प्रमाण सद्याची जायरात 09.08.2012 दिसा दिल्ल्या निवाडो निवेदनाची अंमलबजावणी करून आनी 08.07.2019, 30.08.2023 आनी 12.01.2024 दिसा दिल्ल्या आदेशांतल्या उच्च न्यायालयाच्या निर्देशांक पाळो दिवन तशेंच सर्वोच्च न्यायालयाच्या 13.07.2023 दिसा दिल्ल्या आदेशाचें निश्ठावान पालन करीत जारी केल्या.

**सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/ वा उपकर्मचाऱ्यांची भरती 2024-25 खातीर अर्ज करपाखातीर हांगा क्लिक करात:**
**https://ibpsonline.ibps.in/cbiskssnov23/**
(भरती अधिसुचोवणी इंग्लीश आनी हिंदी भाशेंत उपलब्ध आसा)

कार्यावळींचें तात्पुरतें वेळापत्रक अशें आसा:

| उपक्रम | तात्पुरती तारीख |
|---|---|
| **उमेदवारांची अर्ज संपादित/फेरफारसयत ऑनलाइन नोंदणी** | **पयलींच नोंदणी केल्ल्या उमेदवारांनी परतून अर्ज करपाची गरज ना.**<br>**21.06.2024 ते 27.06.2024 मेरेन** |
| **अर्ज शुल्क/सूचना शुल्क भरप (फक्त ऑनलायन मोड)** | **21.06.2024 ते 27.06.2024**<br>**(अनुसूचित जाति/जमाति/पीडब्ल्यूबीडी/एक्सएसएम** |

| | |
|---|---|
| | उमेदवारांक 175/- रुपया (जीएसटी सयत).<br>हेर सगळ्या उमेदवारांक रु.850 /- (जीएसटी सयत)) |
| परिक्षे पयलीं प्रशिक्षण खातीर कॉल पत्रां डावनलोड करप | जुलय 2024 |
| परिक्षे पयलींच्या प्रशिक्षणा (पीईटी) चे आयोजन | जुलय 2024 |
| ऑनलायन परिक्षे खातीर कॉल लेटर डावनलोड करप | जुलय/ऑगस्ट 2024 |
| ऑनलायन परिक्षा | जुलय/ऑगस्ट 2024 |
| ऑनलायन परिक्षेचो निकाल | ऑगस्ट 2024 |
| थळाव्या भाशेच्या चांचणे खातीर कॉल लेटर्स (प्रदेशा प्रमाण) | सप्टेंबर 2024 |
| थळाव्या भाशेची चांचणी (प्रदेशा प्रमाण) | सप्टेंबर 2024 |
| तात्पुरती निवड | ऑक्टोबर 2024 |

**उमेदवारांनी तपशील आनी अद्यावत म्हायते खातीर अधिकृत बँकेच्या संकेतथळार www.centralbankofindia.co.in नेमान लक्ष दवरचें.**

**1. पद/नियुक्ति: सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी.**

**2. नोकरीचें स्वरूप:**
अधीनस्थ कर्मचारी संवर्गाचीं सगळीं सामान्य आनी नित्याचीं कामां आनी तीं कामां करपा खातीर कसलोच खाशेलो पगार दिवचें नात.

**3. पगाराचे प्रमाण (रुपयांत) आनी प्रोबेशन:**

**अ.** वेंचून काडिल्ल्या उमेदवारांक द्विपक्षीय निवाड्या प्रमाण, अधीनस्थ कर्मचारी संवर्गांत सकयल दिल्ल्या पगार प्रमाणा खाला दवरतले.

<table>
<tr><td rowspan="2">19500</td><td>665</td><td rowspan="2">22160</td><td>830</td><td rowspan="2">26310</td><td>990</td><td rowspan="2">30270</td><td>1170</td></tr>
<tr><td>4</td><td>5</td><td>4</td><td>3</td></tr>
<tr><td rowspan="2">33780</td><td>1345</td><td rowspan="2">37815</td><td rowspan="2" colspan="5">(20 वर्सां)</td></tr>
<tr><td>3</td></tr>
</table>

**ब.** मुळाव्या पगाराच्या भायर, वेंचून काडिल्ल्या उमेदवाराक डीए, एचआरए, सीसीए, खाशेलो भत्तो, येरादारी भत्तो, खाशेलो पगार, सुटयेची पगार सवलत, सुटी नगदी, स्वता खातीर आनी आश्रितां खातीर वैजकी विमो, वैजकी मदत, ग्रेच्युटी, परिभाषित अंशदायी पेन्शन येवजण, कर्मचारी ओव्हरड्राफ्ट सुविधा, घर बांदपाखातीर रीण, येरादारी रीण, गट वैयक्तीक अपघात विमो, कर्मचारी कल्याण येवजण्यो आदी, उद्देग व्यापी लागू आशिल्ल्या द्विपक्षीय निवाडो आनी बँकेच्या धोरणां/ नेमा प्रमाण मेळटले.

**क.** वेंचून काडिल्लो उमेदवार बँकेंत सामील जाल्ल्या तारखे सावन स म्हयन्यांच्या सक्रिय सेवेच्या काळा खातीर प्रोबेशनाचेर आसतलो आनी ती यशस्वीपणान पुराय केल्या उपरांत ताची पुष्टी जातली. "प्रोबेशनाच्या काळांत वेंचून काडिल्ल्या उमेदवाराची कामगिरी समाधानकारक दिसली ना जाल्यार ताची उमेदवारी रद्द करतले."

**4. पात्रतायेचे निकश**

अ. राश्ट्रीयतानागरिकता/

अर्जदार एक तर

i. भारताचो नागरीक, वा
ii. नेपाळांत मूळ आशिल्लो, वा
iii. भूतानांत मूळ आशिल्लो, वा
iv. तिबेटी निर्वासित, जो भारतांत कायमचे रावपाच्या हेतान १ जानेवारी १९६२ पयलीं भारतांत स्थलांतरीत जाला, वा
v. मूळ भारतिय मात पाकिस्तान ब /मा संयुक्त प्रजासत्ताक / युगांडा / उदेंत आफ्रिकेंतल्या केनिया / श्रीलंका / तंझानिया पयलीं) तें टँगान्यिका आनी झांझिबारझा / मलावी / झांबिया / (इरे इथिओपिया वा व्हिएतनाम / ह्या प्रदेशांनी स्थलांतरीत जाल्ले आनी आतां परत भारतांत कायमचे स्थायीक जावपाचो हेत आशिल्लो आसूंक जाय.

पूण वयर दिल्ल्या (ii) / (iii) / (iv) वा (v) वर्गांतल्या उमेदवाराकडेन भारत सरकारान हे अधिसुचोवणेच्या तारखे आदीं पात्रतायेचें प्रमाणपत्र जारी केल्ले आसूंक जाय.

ब. <u>कट-ऑफ तारीक</u>: प्रक्रिये खातीर पात्रताय निकशाच्या उद्देशान तात्पुरती कट-ऑफ तारीक 31.03.2023 आसतली. पूण निमाणी कट-ऑफ तारीक बँकेच्या संकेतथळार कळयतले.

<u>नव्या उमेदवारांखातीर</u>

**पिराय**: उमेदवाराची पिराय 31.03.2023 मेरेन 18 वर्सां ते 26 वर्सां मदीं आसपाक जाय.

**वयल्या पिरायेची मर्यादा हातूंत श्रेणीवार शिथीलताय:-**

| क्रमांक | श्रेणी | पिराय शिथीलता |
|---|---|---|
| 1 | सामान्य | शून्य |
| 2 | अनुसूचित जाती/अनुसूचित जमाती | ५ वर्सां |
| 3 | हेर मागास वर्ग (नॉन-क्रिमी लेयर) | ३ वर्सां |
| 4 | "अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचे हक्क कायदो, 2016" खाला व्याख्या केल्ल्या प्रमाण बेंचमार्क अपंगत्व आशिल्लीं व्यक्ती | 10 वर्सां |
| 5 | माजी सैनिक / अपंग माजी सैनिक | संरक्षण दळांत दिल्लो सेवेचो प्रत्यक्ष काळ + 3 वर्सां (अनुसुचित जाती/जमीतीचो माजी सैनिक / अपंग माजी सैनिकांक 8 वर्सां) चडांत चड 50 वर्सां पिरायेची मर्यादा. सरकारी मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण हेर मागास वर्गाच्या उमेदवारांच्या प्रमाण. |
| 6 | विधवा, घटस्फोट घेतिल्लीं बायलां आनी घोवा पासून कायदेशीर रितीन वेगळीं केल्लीं बायलां जीं परत लग्न जावंक नात | मेरेन जनरल/ईडब्ल्यूएस खातीर 35 वर्सां पिराय सवलत, ओबीसी खातीर 38 वर्सां आनी अनुसुचित जाती/जमीतीच्या उमेदवारांखातीर 40 वर्सां |

**नोंद घेवची:-**

(i) अनुसूचित जाती /जमाती/ हेर मागास वर्गाच्या उमेदवारांक वयल्या पिराय मर्यादेंत शिथीलताय संचयीक तत्वाचेर परवानगी दिल्या आनी उरिल्ल्या वर्गांतल्या फकत एका वर्गा वांगडा, जाचे खातीर पिरायेची शिथीलताय वयर कोश्टकांत सांगिल्ले प्रमाण परवानगी आसा.

(ii) स्पश्ट केल्ली चडांत चड पिराय मर्यादा सामान्य वर्गाच्या उमेदवारांक आनी अर्थीक नदरेन दुबळ्या (ईडब्ल्यूएस). वर्गाच्या उमेदवारांक लागू आसा

(iii) पिरायेंत शिथीलताय मागपी उमेदवारांनी बँकेन गरजे प्रमाण सामील जावपाच्या वेळारदस्तावेज सत्यापनाच्या / प्रतीं वांगडा मूळ गर –वेळार आनी भरती प्रक्रियेच्या फुडल्या खंयच्याय पांवड्यार फोटोजेचें प्रमाणपत्र प्रमाणप) त्रांउमेदवारा .सादर करचें पडटलें (क जर तें सादर करपाक जावंक ना जाल्यार ताची उमेदवारी रद्द जाल्या अशें मानतले.

अनुसूचित जाति अनुसूचित /जमाति /हेर मागास वर्गपीडब्ल्यूबीडी वर्गांतल्या उमेदवारांच्या बाबतीं / भारत सरकारान थारायिल्ल्या प्रमाणें सक्षम प्राधिकरणान थारायिल्ल्या स्वरूपांत दिल्लें जाती वर्ग प्रमाणपत्र / जाति वैधताय प्रमाणपत्रा वांगडा), जंय लागू जाता थंय .वैध मानतले (हेर मागास वर्गांतल्या उमेदवारांच्या बाबतींत, तांच्या जाती वर्ग प्रमाणपत्रांत खासा असो कलम आसपाक जाय की /उमेदवार भारत सरकारा खाला नागरी पद आनी सेवांनी हेर मागास वर्गां खातीर आरक्षणाच्या फायद्यांतल्यान वगळिल्ल्या **क्रिमी लेयर** वर्गातलो नासचो .हेर मागास वर्गांतले पूण **क्रिमी लेयर वर्गां**त येवपी उमेदवारांक ओबीसी आरक्षणाचे हक्क नात .अश्या उमेदवारांनी ऑनलायन अर्जांत आपलो वर्ग सामान्य असो दाखोवचोउमेदवारा .न भारत सरकाराच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण, वेळावेळार, **नॉन क्रिमी लेयर वर्ग** कलम आशिल्लें वैध ओबीसी प्रमाणपत्र आपले कडेन दवरचें.

(iv) केंद्र सरकारा वरवी परतून कामाक घेतिल्ल्या माजी सैनिकांक लागू आशिल्ले सकयल दिल्ले नेम परिक्षेक हाजीर आशिल्ल्या माजी सैनिक उमेदवारांक लागू जातले:

क. 'सी' & 'डी' गटांत केंद्र सरकारा खाला पयलींच रोजगार मेळयल्ल्या माजी सैनिक उमेदवारांक केंद्र सरकाराखाला 'सी'/ 'डी' गटांत उच्च ग्रेड वा संवर्गांत दुसरो रोजगार मेळोवपा खातीर माजी सैनिकांक थारायिल्ल्या प्रमाण पिराय शिथीलतायेचो फायदो मेळटलो. पूण केंद्र सरकाराच्या नोकऱ्यांनी आरक्षणाच्या फायद्या खातीर माजी सैनिकांक दुसरे खेपे उमेदवरी उमेदवारी मेळची ना .

ख. एकदां नागरी बाजूचेर सरकारी नोकरेंत भरती जाल्ल्या माजी सैनिकांक परतून नोकरी करपा खातीर माजी सेवक म्हणून दिल्ल्या फायद्याचो लाव घेतले उपरांत ताचो माजी सैनिक दर्जो कार्यालयाच्या नदरेन दिनांक 14.08.2014 दिसा आयिल्ल्या भारत सरकार, कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयाचें निवेदन क्रमांक 36034/1/2014–स्थापन जाल्ल्या (Res), वेळावेळार केल्ल्या दुरुस्ते प्रमाण नियंत्रीत जातलो.

ग. जे उमेदवार अजूनय सशस्त्र दळांत आसात आनी माजी सैनिक वर्गा खाला अर्ज करपाची इत्सा आसात, जांचो प्रतिबध्दतेचो विशिश्ट काळ पुराय (एसपीई) जावपाची तारीक 31.03.2024 दिसा वा ताचे आदीं आसा, ते अर्ज करपाक पात्र आसात.

घ. खंयच्याय नागरी रोजगारांत सामील जावचे पयलीं खंयचोय माजी सैनिकान वेगवेगळ्या रिकाम्या सुवातीं खातीर अर्ज केल्लो आसात जाल्यार तो उमेदवार उपरांतच्या खंयच्याय नोकरे खातीर माजी सैनिक म्हण आरक्षणाचो फायदो घेवंक शकता. मात, या लाव घेवपाखातीर, माजी सैनिक खंयच्याय नागरी नोकरेंत भरती जाताच, ताणे/तिणे ज्या वेगवेगळ्या पदांखातीर अर्ज केल्लो अशा वेगवेगळ्या पदांच्या अर्जाच्या तारखेप्रमाण तपशील संबंधित नियोक्त्याक स्व-घोशीत/ हमीपत्र दिवचें .फुडे, हो लाव फकत रित्या पदांखातीर उपलब्ध आसतलो जी थेट भरतीवरवी भरतले आनी जंय माजी सैनिकांक आरक्षण आसतलें .

ङ. अनुसूचित जाती/ जमाती/ हेर मागास वर्ग/ आर्थिक नदरेन दुबळया वर्गांतल्या उमेदवारांकय अनारक्षीत रित्या पदां खातीर अर्ज करपाक मेळटलोपूण अशा प्रकरणांत अनारक्षित वर्गांतल्या उमेदवारांक लागू आशिल्लीं मार्गदर्शक तत्वां . लागू जातलीं.

**शिक्षणीक पात्रताय**

उण्यांत उणी शिक्षणीक पात्रताय 10 वी उत्तीर्ण / एसएससी उत्तीर्ण वा ताचे समतुल्य परिक्षा उत्तीर्ण आसतली.

**सफाय कर्मचारी सह-उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी वित्तीय वर्स 2012-13 च्या भरती प्रक्रियेंत ३८ प्रदेशांनी अर्ज केल्ल्या उमेदवारांक (परिशिष्ट-I-A), जंय भरती प्रक्रिया पुराय जावंक नाशिल्ली**

एकेच फावट करपाचो उपाय म्हण केंद्रीय कार्यालय वेवस्थापनाच्या मार्गदर्शक तत्वां भितर वेगवेगळ्या शाखांनी अशे तरेन गुंतयल्ल्या अशा तात्पुरत्या/ कॅजुअल कामगारांक 'सफाई कर्मचारी -उप-कर्मचारी' आनी/वा 'उप-कर्मचारी' ह्या नांवान अधीनस्थ कर्मचाऱ्यांच्या पदाचेर नव्या उमेदवारां वांगडा पूर्णवेळ तत्वाचेर (पात्रताय निकशा प्रमाण) सकयल दिल्ल्यो सगल्यो अटी पुराय केल्यो जाल्यार निवड करपा खातीरच्या भरती प्रक्रियेंत वांटो घेवंक मेळटलो:

**पिराय:**

i. अशा तात्पुरत्या/आकस्मिक कर्मचाऱ्यांनी अधीनस्थ संवर्गात (सफल कर्मचारी म्हणून) गुंतयल्ले आसचें आनी ताणी 09.08.2012 दिसा वा ते पयली 12 महिन्यांच्या सेगीत कालावधीत उण्यात उणे 45 दिस सेवा दिल्ली आसची आनी सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी वा उपकर्मचाऱ्याची प्रक्रिया वित्तीय वर्स/2012-13 भरतेंत अर्ज केल्लो आसचो. (दस्तावेजी पुरावे गरजेचें. (

ii. उमेदवाराची पिराय 18 ते 26 वर्सां मदीं आसचीजेन्ना ते सुरवेक (नेमा प्रमाण पात्र वर्गांत शिथीलताय) आकस्मीक कामगार म्हणून कामाक/तात्पुरतोलागील्ले.

iii. निवाडो काडिल्लो दिस म्हळ्यार 09.08.2012 दिसा प्रमाण वर्ग सोडल्यार म्हळयार), अनुसूचित जातीज/माति/ओबीसी/सामान्य ( उमेदवाराची पिराय 45 वर्सां परस चड आसूंक फावना. – :नोंद) उमेदवाराची चडांत चड पिराय31.03.2023 प्रमाण 57 वर्सां परस चड आसूंक फावना

iv. वेंचून आयल्यार उमेदवारान सेगीत 12 म्हयन्यांच्या काळांत उण्यांत उणें 45 दीस तात्पुरत्याआकस/्मीक तत्त्वाचेर बँके वांगडा काम केल्ल्याच्या दाव्याक आदार दिवपा खातीर बँकेक मान्य आशिल्ले समाधानकारक पुरावे सादर करचे.

v. यशस्वी उमेदवारांची नेमणूक मंजूर केल्ल्या रित्या सुवाती प्रमाण प्रदेशा भितर करतले.

vi. उपकार करून लक्षांत घेवचें की 'सफाय कर्मचारीकर–उप–सह –्मचारी' आनी वा/'उपकर्मचा–री' हांची निवड करपा खातीर जावपी भरती प्रक्रियेंत तात्पुरत्याआकस्मीक कामगारांक परवानगी दिवप/ हो, सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्देशांक पाळो दिवन 09.08.2012 दिसा काडिल्ल्या निवाड्याच्या आशिल्लो एकूच फावट करपाचो उपाय आसतलो आनी फुडाराक, पूर्वतयारी म्हण हाचो उल्लेख करचे नातफुडें ., अशे तात्पुरते आकस्मीक कामगार जे ह्या/प्रक्रिये खाला प्रक्रिये खातीर खंयच्या कारणांक लागून अर्ज करूंक नात, वा जे, प्रक्रियेंत वांटो घेतल्यात पूण तातूंत वेंचून काडूंक शकले नात, तांकां फुडाराक परतून आपोवपाखातीर कसलोच अधिकार दावो/करचे नात.

पान-3 चेर सांगिल्ले प्रमाण प्रमाणपत्र उत्पादना संबंदीत हेर सगळीं मार्गदर्शक तत्वां ह्या वर्गांत अर्ज करपी व्यक्ती खातीर लागू जातली.

**शिक्षणीक पात्रताय**: उण्यांत उणो आठवी पास वा ताचे समतुल्य परिक्षेंत पास. उच्च शिक्षणाक बँकेच्या सेवेंत कसलीच सवलत, मेल ना.

<u>हेर निकश (दोनूय चॅनलांक सामान्य):</u>

**i. ज्या रिक्त पदां खातीर उमेदवार अर्ज करपाक सोदता त्या उमेदवाराक राज्यसंघ प्रदेशा/ची अधिकृत भास येवपात जाय संघ प्रदेशाच्या अधिकृत भाशेंत वाचपाक/म्हळयार उमेदवाराक राज्य), बरोवपाक आनी उलोवंक येवपाक जाय. (**

**ii. उमेदवार राज्यसंघ प्रदेशांतलो थळावो रहिवासी आसूंक जाय/**

<u>**बेंचमार्क अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर आरक्षण**</u>

"अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचो हक्क कायदो, 2016" च्या कलम 34 खाला, बेंचमार्क अपंगत्व आशिल्लीं व्यक्ती आरक्षणाक पात्र आसा.RPWD कायदो 2016 च्या अनुसूचींत परिभाषित केल्लेप्रमाण आनी अपंग व्यक्तींच्या सक्षमीकरण विभागा (दिव्यांगजन) वरवी वेळावेळार अधिसूचित केल्लेप्रमाण अपंगांच्या अल्प श्रेणी आशिल्ल्या व्यक्तींखातीर हे पद योग्य आसा..

**अ. आर्थोपेडिकली चॅलेंजड ("ओसी" वर्ग):**
सेरेब्रल पक्षाघात, कुश्ठरोगांतल्यान बरे जाल्ले, वामनपण, स्नायू विकृतताय आनी एसीड अटॅकाचो बळी, मेरुरज्जू विकृतताय (एसडी) आनी मेरुरज्जूक दुखापत (SI) कसलेंच संबंदीत तंत्रिका / हातपांय विकृतताय नासतना, खंयचीच संबंदित न्युरोलॉजीकल/अवयवाचो विकार जावचें शिवाय, स्वत: च्या आणि वस्तूंच्या हालचालींशी संबंधित विशिष्ट क्रिया करपाक त्या मनश्याची असमर्थताय.
आर्थोपेडिक आव्हान आशिल्ल्या व्यक्तींक हालचाल अपंगत्वा खाला आस्पावतात.

a. **"कुश्ठरोग बरो जाल्लो मनीस**म्हळयार कुश्ठरोग "ातल्यान बरो जाल्लो पूण ताका:

ख. हातांत वा पांयांत संवेदना ना जावप तशेंच दोळयांत संवेदना ना जावप आनी तशेंच दोळयांत तशेंच दोळयाच्या पापणेंत पॅरेसिस जावप पूण तातूंत स्पश्ट विकृतताय नासलेली;

ग. प्रगट विकृतताय आनी पॅरेसिस पूण हात पांयांत फावो ती हालचाल आसप–जेणेकरून तांकां सामान्य अर्थीक कार्यावळींत वांटो घेवपाक सक्षम आसप

घ. आत्यंतिक शारिरीक विकृतताय तशेंच चड पिराय जी ताका तिका खंयचोय फायदेशीर वेवसाय करपाक/न मेळपाचे कारण आसा, आनी कुश्ठरो"गातल्यान बरो जाल्लोह्या अभिव्यक्तीचो ते प्रमाण अर्थ लावचो "

ङ. **ख . "सेरेब्रल पाल्सी**म्ह "ळयार कुडीच्या हालचालींचेर आनी स्नायूंच्या समन्वयाचेर परिणाम करपी नॉनप्रोग्रेसिव्ह –न्यूरोलॉजिकल परिस्थितींचो एक गट, जो मेंदूच्या एक वा चड विशिश्ट भागांचें लुकसाण करता जो चड करून जल्मापयली, जल्म जाते वेळार वा जल्म जाल्या उपरांत रोकडोक जाता .

च. म्हणल्यार वैजकी वा आनुवंशिक स्थिती जाका लागून प्रौढ उंचाय "वामनपण"4 फूट 10 इंच ) 147 सेंमीवा (. ताचेपरस उणी आसता

छ. म्हळयार मनशाचे कुडीक "स्नायू विकृतताय"हालचाल करपी स्नायू दुबळे करपी, वंशपरंपरेन जावपी आनुवंशिक स्नायू दुयेंसांचो गट. एका परस चड विकृतताय आशिल्ल्या व्यक्तींच्या जीनांत चुकीची शेणिल्ली म्हायती आसता, जाका लागून तांकां भलायकेन बऱ्या स्नायू खातीर जाय आशिल्लीं प्रथिनां तयार करपाक मेळनातहाडांचो स्नायू क्रमीक . दुबळे जावप, स्नायूंच्या प्रथिनांत दोश जावप आनी स्नायूंच्या पेशींक आनी ऊतकांक मरण येवप ही ताची लक्षणां.

ज. **"ॲसिड अटॅकाचो बळी**म्हणल्यार आम्ल वा तत्सम संक्षारक पदार्थ उड "ोवन हिंसक हल्ल्याक लागून विकृत जाल्ली व्यक्ती.

**आ. दृश्य दुर्बलताय ) "VI" श्रेणी (:** जे उमेदवार फकत नदरेक अपंगत्व आशिल्ले ) VI) व्यक्ती, जे सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका परिस्थितीचो त्रास सगळयांत बरी दुरुस्ती केल्या उपरांत लेगीत सोंसतात, ते अर्ज करपाक पात्र आसात.

**क. कुड्डेंपण**

i. दोळयांत सामकीच दृष्टी नासप; वा
ii. दृष्य तीक्ष्णताय 3/60 परस कमी वा 10/200 (स्नेलेन) पेक्षा कमी शक्य तितक्या बऱ्या सुधारणेसयत
iii. १० अंशांपरस उण्या कोनांत सकयल पडपी नदर क्षेत्राची मर्यादा वा

**ख. उणी नदर:**

i. दृष्य तीक्ष्णताय 6/18 परस चड वा 20/60 परस कमी नासप ते 3/60 मेरेन वा 10/200 मेरेन (स्नेलेन) शक्य तितक्या बऱ्या सुधारणांसयत; वा
ii. 40 अंशापरस उण्या कोनांत 10 अंश मेरेन सकयल देंवपी नदर क्षेत्राची मर्यादा पदवी.

**ग. आयकुपाक दुर्बलताय ("HI" वर्ग):**
अ. बहिरो: म्हळयार दोनूय कानांत उलोवपाच्या कंप्रतेंत 70 डीबी श्रवणशक्ती कमी आशिल्ली व्यक्ती.
ब. आयकुपाक कठीण जावप: म्हळयार दोनूय कानांत उलोवपाच्या कंप्रतेंत 60 डीबी ते 70 डीबी श्रवणशक्ती कमी आशिल्ली व्यक्ती

**घ. "आयडी" वर्गफकत ते व्यक्ती :, जे सकयल दिल्ल्या खंयच्याय प्रकारच्या अपंगत्वांतल्यान ग्रस्त आसात, तेच ह्या वर्गा खाला अर्ज करपाक पात्र आसात:**

i. **बौध्दिक अपंगत्व.**

अ. ऑटिझम स्पॅक्ट्रम डिसऑर्डर ) ASD) म्हळयार सादारणपणान जिणेच्या पयल्या तीन वर्सांत दिसपी एक न्यूरो-डेव्हलपमेंटल स्थिती जी मनशाचे संवाद सादपाचें, सोयऱ्यांचें संबंद समजून घेवपाचे आनी हेरांकडेन संबंद दवरपाचे क्षमतेक म्हत्वाचो परिणाम करता आनी चड करून असामान्य वा रूढ विधी वा वागणुकींकडेन संबंदीत आसता.

आ. स्पेसिफिक लर्निंग डिसॅबिलिटी" (एसएलडी) म्हळयार अश्या परिस्थितींचो एक विशम गट जातूंत उलयल्ली वा बरयल्ली भास समजून घेवपाक ते व्यक्तीक समजपाक, उलोवपाक, वाचपाक, बरोवपाक, शब्दलिखाण करपाक वा आकडेवारी करपाक अडचण येंव शकता. संवेदनाक्षम अपंगत्व, डिस्लेक्सिया, डिस्ग्राफिया, डिस्कॅल्क्युलिया, डिस्प्रॅक्सिया आनी विकासात्मक वाचाघात ह्या सारक्या परिस्थितींचो आसपाव जांव येता.

इ. **"मानसीक दुर्येस" (MI)** म्हळयार विचार, मनोवृत्ती, धारणा, अभिमुखताय वा स्मृती हांचो एक सारको विकार जो निर्णय, वागणूक, वास्तव वळखुपाची तांक वा जिणेच्यो सादारण मागण्यो पुराय करपाची तांक खरपणान इबाडटा, पूण तातूंत मंदताय आसपावीत ना जी मनशाच्या मनचो अपूर्ण विकासाची स्थिती, खास करून बुध्दीची उपसामान्यताय हय.

ii. **"बहु अपंगत्व"** म्हणल्यार कलम "क" "ख" "ग" "घ ) i)" मदल्या अपंगत्वातली एका परस चड अपंगत्वा आसाप .

**टिप:** फकत बेंचमार्क अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीच आरक्षणाक पात्र थारतली. "बेंचमार्क अपंगत्व" म्हळयार विशीश्ट अपंगत्वाच्या 40% परस उणे नाशिल्ली व्यक्ती जंय विशीश्ट अपंगत्व मेजपाक येवपासारके अटींनी परिभासीत केल्ले ना आनी अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचो समावेश आसा, जंय अपंगत्वाची व्याख्या प्रमाणित प्राधिकरणान प्रमाणित केल्लेप्रमाण मेजपात येवपासरकी अटींनी नमूद केल्या.

**आरक्षणाचो फायदो घेवपाक सोदपी व्यक्तीक भारत सरकाराच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण सक्षम प्राधिकरणान जारी केल्लें अपंगत्व प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें. अश्या प्रमाणपत्राचें सक्षम प्राधिकरणान थारायले जाल्यार सत्यापन/ पुनर्सत्यापन जांव येता.**
**बेंचमार्क अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर राखीव रित्या सुवातीचें वाटप "अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचो हक्क कायदो, 2016" त थारायिल्ले प्रमाण आनी बँकेन जाहीर केल्ल्या प्रत्यक्ष रित्या पदां प्रमाण जातलें.**
**अ. बरोवपी वापरून बेंचमार्क अपंगत्व/विशीश्ट अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर मार्गदर्शक तत्वां**
भारत सरकारच्या भैशिक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालय, अपंगत्व वेव्हार खातें, नवी दिल्लीन दिनांक 26.04.2013 दिसा काडिल्ल्या कार्यालय निवेदन F. क्रमांक 16-110/2003-DDIII आनी भारत सरकाराच्या अर्थ मंत्रालय, वित्तीय सेवा खात्यान दिनांक २६.०४.२०१३ दिसा काडिल्ले F. क्रमांक 3/2/2013-कल्याण स्पश्टीकरण पत्र, तशेंच दिनांक 29.08.2018 दिसा भारत सरकार, समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालय, अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचें सशक्तीकरण खात्यान (दिव्यंगजन) काडिल्ले F. क्रमांक 34-02/2015-DD-III कार्यालय निवेदन आनी दिनांक 10.08.2022. दिसा काडिल्ल्या F.क्रमांक 29-6/2019- DDIII वरवी जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्त्वांप्रमाण बरोवपी वापरपाची परवानगी मेळटली.

**अशा सगळ्या प्रकरणांत जंय बरोवपी वापरतात, थंय सकयल दिल्ले नेम लागू जातले:**

• उमेदवाराक स्वताच्या खर्चाचेर स्वताच्या बरोवप्याची वेवस्था करची पडटली.

• दिनांक 10.08.2022 दिसा काडिल्ल्या कार्यालय निवेदन – F क्रमांक 29-6/2019-डीडी-III प्रमाण बरोवप्याचो लाव घेवपी उमेदवारांक, बरोवप्याची मदत घेवपा खातीर ऑनलायन परिक्षेच्या वेळार प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें, जातूंत त्या उमेदवाराक बरोवप्याचो आदार घेवप गरजेचे आसा अशें नमूद केल्ले आसतलें आनी तो बरोवपी परिशिश्ट I त दिल्ल्या प्रोफॉर्मा प्रमाण सरकारी भलायकी जतनाय संस्थेच्या सक्षम वैजकी प्राधिकरणांतल्यान हाडील्ले आसूंक जाय.

• बरोवपी खंयच्याय शिक्षणीक विभागातलो आसूं येता.

• उमेदवार तशेंच बरोवपी दोगांयनी बरोवप्या खातीर वयर दिल्ले सगले पात्रताय निकश पुराय करता हाची खात्री करून योग्य हमी दिवची पडटली. फुडें जर अशें लक्षांत आयले की तो/ती खंयचोय थारायिल्लो पात्रतायेचो निकश पुराय करीना वा भौतिक तथ्य लिपयल्यात जाल्यार उमेदवाराची सफाय कर्मचारी वा उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी भरती प्रक्रीया २०२४-२५ ची उमेदवारी रद्द जातली.

• ऑनलायन अर्ज करतना वा परिक्षेच्या वेळार वा खंयच्याय पांवड्यार सादर केल्ल्या घोशणापत्रांत उमेदवार/ बरोवप्या विशीं मुद्दाम चुकीची म्हायती दिल्या अशें कळत जाल्यार उमेदवार आनी बरोवप्याक एक तर कायमचे वा थारायिल्ल्या काळा खातीर सफाय कर्मचारी वा उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी भरती प्रक्रीया २०२४-२५ च्या परिक्षेंत बंदी घालतले.

• जे उमेदवार बरोवपी वापरतात ते परिक्षेंत 20 मिनटांची भरपाय वेळ सवलतीक वा दर एका वराक सल्लो घेवपाखातीर पात्र आसतले.

• वेळ घटकाचें म्हत्व पळोवन, परिक्षा स्पर्धात्मक स्वरुपाची आशिल्ल्यान, उमेदवारान बँकेच्या वैजकी अधिकाऱ्याक पुरायपणान समाधान दिवचें पडटलें की ताका/तिका ताचे सयत बरोवपाक शारिरीक मर्यादा आशिल्ल्यान बरोवप्याचो वापर करपाची गरज आशिल्ली तशेंच बेंचमार्क/निर्दिश्ट अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं संबंदी मार्गदर्शक तत्वांनी सांगिल्ल्या प्रमाणें बरोवपाची गती नाशिल्ल्यान उमेदवाराक बरोवप्याची सेवा वापरची पडली.

• उमेदवारान वेवस्था केल्लो बरोवपी खातीर सफाय कर्मचारी वा उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी भरती प्रक्रीया २०२४-२५ खाला ऑनलायन परिक्षे खातीर अर्ज केल्लो उमेदवार आसूंक फावना. प्रक्रियेच्या खंयच्याय पांवड्यार वयल्या गजालींचें उल्लंघन जाल्ल्याचें दिसून आयल्यार उमेदवार आनी बरोवपी दोगांयच्याय खातीर सफाय कर्मचारी वा उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी भरती प्रक्रीया २०२४-२५ खातीरची उमेदवारी रद्द जातली. परिक्षेंत बरोवप्याची सेवा मेळोवपाक पात्र आनी वापरपाक सोदपी उमेदवारांनी ऑनलायन अर्जांत तशें नमूद करचें. उपरांतची खंयचीय विनवणेक अनुकूल रितीन मान्य जावची ना.

• एक बरोवपी फकत एका उमेदवाराक सफाय कर्मचारी वा उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी भरती प्रक्रीया २०२४-२५ परिक्षेंत बरोवपी म्हूण काम करू शकता. प्रक्रियेच्या खंयच्याय पांवड्यार ताचें उल्लंघन दिसून आयल्यार, सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/ वा उपकर्मचारी 2024-25 च्या भरती प्रक्रिया खातीर उमेदवारांची उमेदवारी रद्द जातली आनी फुडल्या सफाय कर्मचारी वा उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी भरती प्रक्रीया २०२४-२५त त्या बरोवप्याचेर बंदी घालतले.

• फकत भरपाय वेळा खातीर नोंदणी केल्ल्या उमेदवारांक (ऑनलायन नोंदणी वेळार) अशी सवलती मेळटली कारण उमेदवारांक दिल्लो भरपाय वेळ वेवस्थेचेर आदारीत आसतलो, ऑनलायन नोंदणी करतना ताचे खातीर नोंदणी करूंक ना जाल्यार ताका / तिका असो वेळ दिवप शक्य जावचें ना. भरपाय वेळा खातीर नोंदणी करूंक नाशिल्ल्या उमेदवारांक अशी सवलत मेळची ना.

• परिक्षेच्या वेळार खंयच्याय पांवड्यार जर बरेवपी स्वतंत्रपणान प्रस्नांक जाप दिता अशें दिसून आयलें जाल्यार परिक्षेचें सत्र थंयच सोंपयतले आनी उमेदवाराची उमेदवारी रद्द जातली. तशेंच जर चांचणी प्रशासक कर्मचाऱ्यांनी परिक्षे उपरांत बरोवप्यान स्वतंत्रपणान प्रस्नांक जाप दिल्या अशें कळयलें जाल्यार त्या बरोवप्याची सेवा वापरपी त्या उमेदवारांची उमेदवारी रद्द जातली. अशा प्रकरणांत, उमेदवार आनी बरोवप्याक एक तर कायमचे वा थारायिल्ल्या काळा खातीर सगळ्या सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/ वा उपकर्मचारी 2024-25 च्या भरती प्रक्रिया परिक्षांखातीर बंदी घालतलें.

• बँक बंदी घातिल्ल्या उमेदवारांची/ बरोवप्यांची वळेरी हेर भरती एजन्सींक तांच्या म्हायती खातीर वांटपाचो अधिकार राखून दवरता.

• बँक स्वेच्छा तत्त्वाचेर उमेदवार/ बरोवप्याचे ऑनलायन आधारकार्ड सत्यापनूय करूंक शकता.

### इ. हालचाल अपंगत्व आनी मस्तिष्क पक्षाघात आशिल्ल्या उमेदवारांक मार्गदर्शक तत्वां

हालचाल अपंगत्व आनी मस्तिष्क पक्षाघात आशिल्ल्या जांच्या डोमिनंट (बरोवपाची) एक्स्ट्रीमिटीचेर परिणाम जावन कार्याची कार्यक्षमाता मंद (उण्यात उणें 40% दुर्बलताय ( जाता, अश्या उमेदवारांक एक वरा फाटल्यान २० मिनटांचो भरपाय वेळ वा हेर सल्लो दिल्ले प्रमाण सवलत मेलटली.

### ई. नदरेक अपंगत्व आशिल्ल्या उमेदवारांखातीर मार्गदर्शक तत्वां

• नदरेक अपंगत्व आशिल्ल्या उमेदवारांनी (जांकां 40% परस उण्या अपंगत्वाचो त्रास जाता) चांचणेची सामग्री वाडयल्ल्या फॉन्टांत मागपाची मेकळीक आसतली, तशेंच अशे उमेदवारांक दर वराक 20 मिनटांचो भरपाय वेळ मेळोवपाक वा परिक्षेखातीर हेर सल्ल्याच्या तरेम पात्र थारतयले.

• परिक्षे खातीर बरोवपी वापरपी नदरेक अपंगत्व आशिल्ल्या उमेदवारांक चांचणेचो सामग्री वाडयल्ल्या फॉन्टांत पळोवपाची सुविधा मेळची ना.

**उ. बौध्दिक अपंगत्व (आयडी) आशिल्ल्या उमेदवारांखातीर मार्गदर्शक तत्वां**
40% परस चड बौध्दिक अपंगत्व (ऑटिझम, बौध्दिक अपंगत्व, स्पेसीफीक लर्निंग डिसॅबीलीटी आनी मानसीक दुयेंस) आशिल्ल्या उमेदवारांक, बरोवपी वापरताना वा वापरी नासतना, दर वराक वीस मिनटांचो भरपाय वेळ मेळटलो.
**ऊ. 40 % परस उणें अपंगत्व आशिल्ल्या आनी बरोवपाक अडचणी आशिल्ल्या विशिश्ट अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर मार्गदर्शक तत्वां.**
• बरोवपी वापरपाक पात्र आशिल्ल्या उमेदवारांक परिक्षेच्या दर वराक उण्यात उणो 20 मिनटां भरपाय वेळ दितले. परिक्षेचो काळ एक वरापरस उणो आसल्यार, मागीर भरपाय वेळाचो काळ आनुपातिक तत्वाचेर थारायतले.
**नोंद घेवची**:

i. ही मार्गदर्शक तत्वां GOI मार्गदर्शक तत्वांस्पश्टीकरणाच्या नदरेन /, जर आसली जाल्यार त्या त्या वेळार बदलूं येतात.
ii. उमेदवाराच्या गूणवैधतेचेर दुबाव आसल्यार बँ/कामगिरीच्या खरेपणाचेर /केकडेन परतून परिक्षा घेवपाचो अधिकार आसतलो.

**व्याख्या आनी अर्थ:-**

**माजी सैनिक (एक्सएसएम)**

i. **माजी सैनिक ) EXSM):** भारत सरकाराच्या गृह मंत्रालय, कार्मिक आनी प्रशासकीय सुदारणा खात्यान दिनांक 27.10.1986 दिसा काडिल्ल्या अधिसुचोवणी क्रमांक 36034/5/85 इएसटीटी (एससीटी) , जातूंत वेळावेळार दुरुस्ती केल्ल्या प्रमाण, तातूंत नमूद केलेल्या सुधारित व्याख्येची पूर्तताय करपी उमेदवारांकूच माजी सैनिक म्हण मानतले.
ii. **अपंग माजी सैनिक : (डीआयएसएक्सएस)** संघटनेच्या सशस्त्र दळांत काम करतना झुजाच्या काळांत वा शांततायेच्या काळांत अपंगत्व आयले, पूण तांका अपंगत्व लश्करी सेवेक लागून आयला अश्या उमेदवारांक अपंग माजी सैनिक म्हणून वागणूक दितले.
iii. **लडायेवेळरा मरण पाविल्ल्या सैनिकांचें आश्रीत (डीएक्ससी):** सकयल दिल्ल्या कारवायांनी मरण आयिल्ल्या सेवक सैनिकांक लश्करी सेवेक लागून जाल्ल्या कृतींत मरण अशें मानतले झु (अ) जावेळार (ब) एक तर पाकिस्ताना वा हेर खंयचोय देशावांगडा गोळीबार बंद करपाचे लायनीचेर झुजा सारकीं कारवाय वा शिमेचेर जाल्ली झगडीं (ग) बंडखोरी विरोधी वातावरणांत सशस्त्र दुस्मानाआड म्हळयार नागालँड, मिझोराम आदी वांगडा झुजप (घ) दुस्मानाच्या (इ) परदेशांत शांतताय राखपाच्या मिशनान सेवा दिवपसैनिक खणीं सयत सैनिक खणी तयार करप वा रित्यो करप तशेंच ऑपरेशनाच्या आदी एक म्हयनो आनी ऑपरेशन सोंपून तीन म्हयन्या उपरांत सैनिक खणी रित्यो करपप्रत्यक्ष कारवाय करतना वा सरकारान थारायिल्ल्या काळांत दं (च) वान जाल्ली दुखापतआंदोलन करपी (छ) श्रीलंकेंत कारवाय करतना मरण आयिल्ले आयपीकेएफ (ज) अर्दलश्करी दळांच्या कर्मचाऱ्यां कडेन वेव्हार करप कर्मचारी.

कारवायेवेळार मरण आयिल्ल्या सैनिकाच्या आश्रितांखातीर आरक्षणाच्या सवलतीचो लाव घेवपाच्या उद्देशान घराब्यातल्या सदस्यातले ताची विधवा बायल, पुत, धुव वा ताच्या लागीच्या सोयऱ्याचो आस्पाव आसतलो जो ताच्या घराब्याक आदार दिवपाक सहमत आसतलो आनी भरती जावचें वेळार ह्या शिथीलतायेचो फायदो माजी सैनिकांचेर अवलंबून आशिल्ल्या एका आश्रीतान घेतला वा कोणेच घेवंक ना अशे एक प्रतिज्ञापत्र दिवचें पडटलें.
पिरायेची वयली मर्यादा आनी शिक्षणीक पात्रताय हातूंतली शिथीलताय सेवेंत आसताना मरण पाविल्ल्या माजी सैनिकाच्या आश्रीतांक मेळना.
टीप: 1) (i) उमेदवार, जांणी सशस्त्र दळ सोडलां/निवृत्त जाल्यात, तांकां डिस्चार्ज प्रमाणपत्र/पुस्तिका ना जाल्यार हे अधिसुचोवणेक जोडिल्ल्या प्रोफॉर्मा 'ए' प्रमाण प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें, (ii) सशस्त्र दळांत सेवेंत आशिल्ल्या आनी माजी सैनिक श्रेणी वरवी अर्ज करपाची इत्सा आशिल्ल्या उमेदवारांक सक्षम प्राधिकाऱ्यांकल्यान प्रमाणपत्र (प्रोफॉर्मा 'बी') सादर करप गरजेचें आसतलें जातूंत ताचो विशिश्ट काळ पुराय

जाल्ल्याची (SPE) घोषणेसयत (प्रोफॉर्मा 'C') तारीख आसतली. अशे उमेदवार जांचो एसपीई 31.03.2024 दिसा वा ताचे आदीं पुराय जाला तेच ह्या भरते खाला अर्ज करपाक पात्र आसात. तशेंच बँकेंत रूजू जावपाच्या वेळार तांकां मुक्ती पत्र सादर करचें पडटलें की ताका/तिका भारत सरकाराच्या नेमा प्रमाण माजी सैनिकांक मान्य आशिल्ल्या फायद्यांचो हक्क आसा अशें सांगचें पडटलें. (iii) ज्या उमेदवारांनी आपलो सुरवातीचो काळ पयलींच पुराय केला आनी विस्तारीत नेमणुकेचेर आसात, तांणी प्रोफॉर्मा 'डी' प्रमाण प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें. वेंचून आयल्यार अशा उमेदवारांक वयर (ii) आनी (iii) त उल्लेख केल्ल्या, 31.03.2024 दिसा वा ताचे आदीं सुटका मेळिल्ली आसूंक जाय आनी बँकेंत रुजू जावपाक जाय. हीं प्रमाणपत्रां सामील जावपाच्या वेळार अनिवार्यपणान सादर करचीं पडटली.

**टिप: 15.11.1986 सावन प्रादेशिक लष्करातल्या कर्मचाऱ्यांक माजी सैनिक म्हण मानतले.**

**म्हत्वाचें: व्याख्या, शिथीलताय आदी संबंदीत सरकारी मार्गदर्शक तत्वां वेळावेळार बदलूं येतात. अर्ज सादर करतना सशस्त्र सेवेच्या खंयच्याय फांट्यांत काम करपी खंयच्याय व्यक्तीक अधिसुचोवणेंत थारायिल्ल्य अटी पुराय केल्या बगर माजी सैनिक म्हण मानून घेवचें नात.**

**ईडब्ल्यूएस (आर्थीक नदरेन दुबळो वर्ग)**

1. अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी हेर मागास वर्गांक आरक्षणाच्या सद्याच्या येवजणे खाला आस्पाव नाशिल्ल्या आनी ज्या व्यक्तींच्या कुटुंबाचें एकूण वर्सुकी उत्पन्न 8.00 लाख रुपया (फकत आठ लाख रुपया) परस उणें आसा तांकांच आरक्षणाच्या फायद्या खातीर ईडब्ल्यूएस म्हणून वळखुचें. उत्पन्नांत सगळ्या स्त्रोतां वयल्यान मेळपी उत्पन्नाचो आस्पाव आसतलो म्हणल्यार पगार, शेती, वेवसाय, पेशा हेर आनी तो अर्ज करपाच्या वर्सा पयलींच्या अर्थीक वर्साचें उत्पन्न आशिल्लो आसचो. तशेंच ज्या व्यक्तींच्या कुटुंबांत सकयल दिल्ल्या मालमत्तेंतली खंयचीय मालमत्ता आसत, जाल्यार तांचे वर्सुकी येणावळ कितली आसली जाल्यार त्या उमेदवाराक (इडब्ल्युएस) धरचें नात.
i.) ५ एकर वा ताचेपरस चड शेतकी जमीन;
ii.) 1000 चौखण फूट वा ताचे परस व्हड आशिल्लो निवासी फ्लॅट
iii.) अधिसुचीत नगरपालिकांनी 100 चौखण गज वा ताचे परस व्हड आशिल्लो निवासी प्लॉट;
iv.) अधिसुचीत नगरपालिका सोडून हेर वाठारांनी 200 चौखण गज वा ताचे परस व्हड निवासी प्लॉट.
2. वेगवेगळ्या सुवातींनी वा वेगवेगळ्या सुवातेर / शारांनी "घराब्या" कडेन आशिल्ली मालमत्ता ईडब्ल्यूएस स्थिती थारावपा खातीर जमीन वा मालमत्ता धरपाची चांचणी लागू करतना एकठाय मतींत धरतले.
3. सक्षम प्राधिकरणान उत्पन्न आनी मालमत्ता प्रमाणपत्र जारी केलें जाल्यार ईडब्ल्यूएस खाला आरक्षणाच्या फायद्याचो लाव घेवंक मेळटलो. भारत सरकारान थारायिल्ल्या स्वरूपांत अधिसुचोवणी दिल्ल्या प्रमाण खंयच्याय एका प्राधिकरणान जारी केल्लें उत्पन्न आनी मालमत्ता प्रमाणपत्र फकत उमेदवाराच्या ईडब्ल्यूएस आसपाच्या दाव्याचो पुरावो म्हण मान्य करतले. दस्तावेज सत्यापना खातीर वेंचून काडिल्ल्या उमेदवारांनी दस्तावेज सत्यापन प्रक्रिये खातीर हाजीर रावतना भारत सरकारान स्पश्ट केल्ल्या प्रमाणें गरजेचीं प्रमाणपत्रां हाडचीं पडटली.
4. ह्या हेतान "कुटुंब" ह्या संज्ञांत आरक्षणाचो फायदो मागपी व्यक्ती, ताचे/तिचे आवय-बापूय आनी 18 वर्सां सकयली भावंडां तशेंच ताचो/तिचो जोडीदार आनी 18 वर्सां सकयल्या भुरग्यांचो आस्पाव जातलो.
5. भारत सरकारान वेळावेळार हे संबंदी जारी केल्ल्या सुचोवण्यांक पाळो दितले.
**चत्राय: ईडब्ल्यूएस रित्यो सुवाती तात्पुरत्यो आसात आनी भारत सरकाराच्या फुडल्या निर्देशांक आनी खंयच्याय दाव्याच्या परिणामांक आदारीत आसत.**
**टिप: ही मार्गदर्शक तत्वां GOI मार्गदर्शक तत्वां/ स्पश्टीकरणाच्या खाला, जर आसत जाल्यार, वेळावेळार बदलूं येतात.**

**क्रेडीट हीस्टोरी:**
(i) अर्ज करपी उमेदवारान खात्री करची की, तांणी क्रेडीट इतिहास दवरची आनी बँकेंत रूजू जावचें वेळार उण्यांत उणो 650 वा ताचे परस चड सीबील स्कोर आसचो. उण्यांत उणो सीबील स्कोर बँकेच्या धोरणा प्रमाण थारतलो जातूंत वेळावेळार दुरुस्ती जातली.
(ii) ज्या उमेदवारांनी बँकेंत रूजू जावचें आदीं सिबिल स्कोर अद्ययावत करूंक ना, तांकां एक तर सिबिल स्कोर अद्ययावत करचो पडटलो वा रिणा दिवप्या कडल्यान हरकत ना प्रमाणपत्र तयार हाडचे पडटले जातूंत सिबिलांत प्रतिकूल रितीन दिसून आयिल्ल्या खात्याच्या संदर्भांत थकबाकी ना हे स्पश्ट करता. अशें करपाक अपेस आयलें जाल्यार ऑफर पत्र फाटीं घेवंक / रद्द करूं येता. हे संबंदी निमाणो अधिकार संबंदीत बँकेकडेन उरतलो.
**टीप**: बँक खातें नाशिल्ल्या उमेदवारांक सिबिल स्कोर दाखोवचो पडचो ना. अर्ज करपा खातीर सिबिल स्कोर ही पूर्व अट ना.

**5. परिक्षे पयलींचें प्रशिक्षण**

भारत सरकारान जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण बँक अनुसूचित जात/ अनुसूचुत जमात/ हेर मागास वर्ग/ धार्मिक अल्पसंख्यांक समुदायाच्या उमेदवारांक ऑनलायन मोडांत परिक्षे पयलीं प्रशिक्षणाची (पीईटी) वेवस्था करतली. परिक्षे पयलींच्या प्रशिक्षणाची निवड करपाक आनी ताचो लाव घेवपाक सोदपी सगळ्या पात्र उमेदवारांक ऑनलायन अर्जांतलो संबंदीत भाग भरचो पडटलो.

**6. निवड प्रक्रिया:-**

निवड ऑनलायन परिक्षा (आयबीपीएसन केल्ली) आनी थळावी भास चांचणेंतल्या (बँके कडल्यान) वरवीं खरपणान योग्यतायेचेर जातली, जी भारत सरकारान हे संबंदी जारी केल्ल्या आरक्षण धोरण आनी मार्गदर्शक तत्वांचेर आदारीत आसतले..

ऑनलायन परिक्षेची ऑनलायन जावपी रचणूक अशी आसतली

| विशय | परिक्षेचें माध्यम | वट्ट गूण | काळ |
|---|---|---|---|
| इंग्लीश भाशेचें गिन्यान (8 वी मेरेन) | इंग्लीश | १० | 90 मिनटां |
| सामान्य जागृताय | * | 20 | |
| प्राथमीक अंकगणित (8 वी मेरेन) | * | 20 | |
| मनोमितीय चांचणी -(तर्कशास्त्र) (8 वी मेरेन) | * | 20 | |
| वट्ट | | 70 | |

सरकाराच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण बँकेन थारायल्ले कटऑफ गूण मेळोवन उमेदवारांक वयल्यो चारूय चांचण्यो उत्तीर्ण जावच्यो पडटल्यो. गरजांचेर आदारून बँकेन थारायिल्ल्या प्रमाण दरेका वर्गातल्या उमेदवारांची फावो ती संख्या थळाव्या भाशेची चांचणी/परीक्षे खातीर वेंचून काडटले.

**थळाव्या भाशेची चांचणी-**
ऑनलायन परीक्षेउपरांत, एकूण रित्या पदांच्या 4 पट (राज्याप्रमाण आनी श्रेणीप्रमाण) पात्र उमेदवारांक थळाव्या भासेच्या परीक्षेखातीर संबंधित विभागीय कार्यालयात (यादी दिल्ल्या) आपयतले. थळाव्या भाशेची चाचणी/परीक्षेचे वेळापत्रक स्वतंत्रपणान कळयतले.

| विशय | एकूण गूण | काळ |
|---|---|---|
| थळाव्या भाशेची चांचणी (8 वी मेरेन) | 30 | 30 **मिनटां** |

उमेदवारांक बँकेन थारायिल्ले कटऑफ गूण मेळोवन थळावी भास चांचणी विशयांत पात्र जावचें पडटले. परिक्षेच्या संरचनेंत खंयचोय बदल जाल्यार ताची म्हायती सेंट्रल बँक ऑफ इंडीयाच्या अधिकृत संकेतथळा वरवीं www.centralbankofindia.co.in कळयतलें. परिक्षे संबंदीत हेर सविस्तर म्हायती, म्हायती हॅण्डआउटांत दितले, जी उमेदवारांक अधिकृत संकेतथळा वरवीं म्हळयार www.centralbankofindia.co.in वरवीं कॉल पत्रां वांगडा डावनलोड करपाक उपलब्ध आसतली.

*** अर्ज केल्ल्या राज्या प्रमाण सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/ वा उपकर्मचाऱ्यांच्या पदा खातीर चांचण्यांच्या आवृत्तीची (परीक्षा माध्यम) वळेरी**

| क्रमांक | राज्य | चांचण्यांची आवृत्ती (परीक्षेचें माध्यम) |
|---|---|---|
| १ | बिहार | इंग्लीश आनी हिंदी |
| 2 | छत्तीसगढ | इंग्लीश आनी हिंदी |
| 3 | दिल्ली (एनसीटी) | इंग्लीश आनी हिंदी |
| 4 | गुजरात | इंग्लीश, हिंदी आनी गुजराती |
| 5 | झारखंड | इंग्लीश आनी हिंदी |
| 6 | मध्य प्रदेश | इंग्लीश आनी हिंदी |
| 7 | महाराष्ट्र | इंग्लीश, हिंदी, मराठी आनी कोंकणी |
| 8 | ओडिशा | इंग्लीश, हिंदी आनी ओडिया |
| 9 | राजस्थान | इंग्लीश आनी हिंदी |
| 10 | उत्तर प्रदेश | इंग्लीश, हिंदी आनी उर्दू |

**ऑनलायन अर्जांत उमेदवारांक वयर दिल्ले प्रमाण परिक्षेची आवृत्ती (परिक्षेचें माध्यम) दिखोवपाचो पर्याय दितले. परिक्षेचें माध्यम दाखोवपाचो हो पर्याय वापरतना उमेदवारांनी जतनाय घेवची. तशेंच ऑनलायन परिक्षेंत दरेका प्रस्ना खातीर 5 पर्याय आसतले.**

**उपकार करून लक्षांत दवरात की उमेदवारांक सकयल दिल्ल्या कागदपत्रां बगर ऑनलायन परिक्षेक हाजीर रावपाक मेळचें ना:**

1) परिक्षेच्या त्या त्या तारखे खातीर आनी सत्रा खातीर वैध कॉल लेटर.
2) कॉल लेटर/ अर्जांत दिसता तशेंच नांव आशिल्ल्या मूळ फोटो-ओळख पुरावो (निर्दिश्ट केल्ल्या प्रमाण).
परिक्षे खातीर कॉल लेटराचेर सांगिल्ल्या वेळा उपरांत उसरां आयिल्ल्या उमेदवारांक परिक्षा दिवपाक मेकळीक मेळची नात.
**कॉल पत्राचेर दिल्ल्या वेळे प्रमाण वा दिल्ल्या वेळे उपरांत उमेदवारान हाजेरी लायली जाल्यार उमेदवाराक परिक्षा दिवपाक परवानो मेळचो ना.**
ऑनलायन परिक्षेचो काळ 90 मिनटांचो आसलो तरी उमेदवारांक परिक्षा केंद्रांत/ स्थळार सुमार 2 वरां वा ताचे परस चड वेळा पयली पावचें पडटलें जेणे करून सत्यापन आनी वेगवेगळे गरजेचे दस्तावेज एकठांय करप, लॉगिंग करप तशेंच सुचोवण्यो दिवप इ. अशे वेगवेगळे औपचारिकताय पुराय करपाक लागपी खातीरचो वेळ आसपावीत आसूं येता.

**उपकार करून लक्षांत दवरात:**
ऑनलायन परिक्षे खातीर कॉल लेटर परिक्षेच्या सुवातेर घेवचें पडटले. परिक्षा केंद्राच्या कर्मचाऱ्यांवरवी ते वेवस्थीत प्रमाणीत/ मुद्रांकीत करतले. थळाव्या भास चांचणे खातीर आपयल्ल्या उमेदवारांनी "माहिती हॅण्डआउट" त दिल्ल्या म्हायती प्रमाण थळावी भास चांचणी कॉल लेटर आनी हेर गरजेचे दस्तावेज हाडचे पडटले. पूण ऑनलायन परिक्षेच्या वेळार स्क्रिब फॉर्म (लागू आसल्यार) एकठांय करतले.

**चुकीची जाप दिल्यार दंड (ऑनलायन परिक्षा)**
उद्देश चांचण्यांनी चुकीचीं जाप दिल्यार दंड आसतलो. ज्या दरेका प्रस्नाक उमेदवारान चुकीची जाप दिल्या, त्या प्रस्नाक दिल्ल्या गूणांतलो एक चवथो वा 0.25 गूण दंड म्हणून काडून उडयतले. जर एका प्रस्नाची जाप रिती सोडली, म्हळयार उमेदवारान जापेर चिन्न ककरूंक ना जाल्यार त्या प्रस्नाक दंड आसचो ना.

**कट-ऑफ स्कोर (ऑनलायन परिक्षा + थळावी भाशेची चांचणी)**
दरेका उमेदवारान ऑनलायन परिक्षेच्या दरेका विशयांत उण्यांत उणो गूण (कट-ऑफ) मेळोवचो पडटलो तशेंच थळाव्या भास चांचणे खातीर उण्यांत उणे गूण मेळोवचें पडटले. फुडें थळाव्या भास चांचणे खातीर निवड केल्ल्या उमेदवारांनी थळाव्या भास चांचणेंतय उण्यांत उणें गूण (कट-ऑफ) मेळोवचें पडटले. निवड प्रक्रिये खातीर वेंचून काडपा खातीर उमेदवाराक ऑनलायन परिक्षा आनी थळावी भास परिक्षेंत मेरीट मेळोवन उत्तिर्ण जावचें पडटलें. राज्य/ केंद्रशासीत प्रदेशा प्रमाण उपलब्ध आशिल्ल्या रित्या पदांच्या संख्ये प्रमाण वट्ट कट-ऑफ गूण थारायतले. जाचो तपशील उपरांत अधिकृत बँकेच्या संकेतथळार www.centralbankofindia.co.in चेर उपलब्ध जातलो.
तात्पुरती निवड प्रक्रिया पुराय करचे पयलीं ऑनलायन परिक्षेंत मेळिल्ले गूण उमेदवारांक सागचें नात. तात्पुरती निवड आनी शॉर्टलिस्टिंगांत बँकेचो निर्णय निमाणो आसतलो.

**परीक्षा केंद्रां**
(i) ऑनलायन परिक्षा भारतांतल्या जायत्या केंद्रांनी स्थळांचेर ऑनलायन जातली. थळावी भाशेची चांचणी 8 झोनांत (झोन: 1. अहमदाबाद, 2. भोपाळ, 3. दिल्ली, 4. कोलकत्ता, 5. लखनव, 6. एमएमझेडओ ( मुंबय महानगरीय विभागीय कार्यालय), 7. पुणे आनी 8. पाटणा) हांगा जातली. ऑनलायन परिक्षे खातीर परिक्षा केंद्रांची तात्पुरती वळेरी आनी थळाव्या भास परिक्षे खातीर राज्या प्रमाण विभागांची वळेरी परिशिश्ट-II त उपलब्ध आसा.
(ii) परिक्षे खातीर केंद्र बदलपाची खंयचीच विनोवणी मान्य करचें नात.
(iii) मात प्रतिसाद, प्रशासकीय कार्यक्षमताय आदीचेर आदारून, आपले विवेकबुद्दीन खंयचेंय परिक्षा केंद्र रद्द करपाचो आनी/वा हेर कांय केंद्रां जोडपाचो अधिकार बँक आपल्या कडेन राखून दवरता.
(iv) उमेदवाराक ताणें निवड केल्ल्या केंद्रा भायर हेर खंयच्याय केंद्रांत घालपाचो अधिकार बँके कडेन राखून दवरला आनी उमेदवाराक बँक ताणे अर्ज केल्ल्या त्या राज्या भायर परिक्षेचें केंद्र दिवंक शकता.
(v) उमेदवार स्वताच्या जोखमीचेर आनी खर्चाचेर परिक्षा केंद्रांत परिक्षेक हाजीर जातलो आनी खंयच्याय प्रकारच्या खंयच्याय जखमी वा लुकसाणा खातीर बँक जापसालदार आसची ना.
(vi) परिक्षा हॉलांत खंयचीय बेशिस्त वागणूक/ गैरवागणूक केली जाल्यार ह्या परिक्षेंतल्यान आनी बँकेच्या फुडल्या हेर परिक्षांतल्यानय उमेदवारी रद्द/ अपात्रत जावंक शकता.

**7. तात्पुरती निवड**

ऑनलायन परिक्षे खातीर वट्ट 70 गूण आनी थळावी भास परिक्षे खातीर वट्ट 30 गुण आसात. उमेदवारान ऑनलायन परिक्षेंत तशेंच थळाव्या भास परिक्षेंत बरे गुण मेळोवचें पडटलें जेणे करून उपरांतच्या तात्पुरत्या निवड प्रक्रिये खातीर त्या उमेदवाराची उमेदवारी विचारांत घेतले, जाचो तपशील बँकेच्या अधिकृत संकेतथळार म्हळ्यार www.centralbankofindia.co.in. उपलब्ध आसतलो.
आरक्षण धोरणाचेर मार्गदर्शक तत्वां, भारत सरकारान/हेरांनी वेळावेळार जारी केल्लीं वेगवेगळीं मार्गदर्शक तत्वां, प्रशासकीय गरज आदी वैध मानतले. हे अधिसुचोवणेंत दिल्ल्यो रित्यो सुवाती सूचक आसात. प्रक्रिया सोंपतकच अहवाल दिवपाच्या प्रत्यक्ष रित्या पदांच्या आदाराचेर तात्पुरती निवड जातली. उमेदवारांनी तात्पुरत्या निवड प्रक्रियेच्या निमाणेकडेन संकेत रित्या सुवातींचो दावो करचो न्हय. ऑनलायन अर्जांत उमेदवारान पयलींच दिल्ल्या वा नोंदणी केल्ल्या डेटांत कसलोच बदल करप शक्य आसचें ना हें लक्षांत घेवचें.

**राखीव वर्गांतल्या उमेदवाराक, सामान्य वर्गाक लागू आशिल्ल्या प्रमाणांच्या आदाराचेर वेंचून काडिल्ल्या उमेदवाराक सामान्य वर्गाच्या उमेदवाराच्या बरोबरीन वागयतले. राखीव वर्गांतल्या अशा उमेदवारांक जे अनारक्षित (सामान्य) वर्गा खाला वेंचून काडल्यात, तांकां राखीव पदा आड समायोजीत करचे नात. पूण ऑनलायन नोंदणींत नोंद जाल्लो तांचो मूळ वर्ग असोच उरतलो आनी अनारक्षित वर्गा खाला तांची निवड जावन लेगीत तांकां लागू आशिल्ले तांचे जाती प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें. तें दिवंक ना जाल्यार उमेदवाराक फुडले प्रक्रिया करपाक आडोव येता.**

दोन वा चड उमेदवारांनी समान गूण मेळयल्यार, प्रचलित पद्दती मेरिट ऑर्डर जल्म तारखे प्रमाण (पिरायेन वरिश्ठ उमेदवाराक पिरायेन कनिश्टा उमेदवारा पयलीं/ वयर दवरतात), थारायतले.

तात्पुरत्या निवडेखातीर उमेदवारान बँकेचे निकश पुराय करप आनी बँकेच्या समाधाना प्रमाण वळख सत्यापन करप गरजेचें आसतले. पूण ताका लागून रोजगाराची ऑफर थारची ना. पात्रताय निकशा संबंदी दस्तावेजांचें सत्यापन बँके कडल्यान जातलें. तशेंच तात्पुरत्या उमेदवारांक राज्य/केंद्रशासीत प्रदेशाची थळावी भाशेची कुशळटाय (वाचप, बरोवप आनी उलोवप) बँक निश्चीत करतली. ह्याच उणावाक लागून उमेदवारी रद्द करपाचो अधिकार बँके आपलेकडेन राखून दवरता. हांगा बँकेचो निर्णय निमाणो आनी उमेदवारांक बंधनकारक आसतलो. भरती प्रक्रियेच्या खंयच्याय पांवड्यार, उमेदवार पात्रतायेचे निकश पुराय करीना अशें दिसून आयल्यार, ताची उमेदवारी/ प्रक्रियेंतली संद काडून घेतले.
तात्पुरती निवड बँकेच्या योग्यताय तत्वाचेर जातली देखून तात्पुरती निवड केल्या उपरांत बदलाची खंयचीच विनोवणी आयकून घेवचें नात. बदलाची खंयचीय विनोवणी केली जाल्यार त्या उमेदवाराची उमेदवारी रद्द जातली. एकदां केल्ली तात्पुरती निवड ही निमणी आनी उमेदवाराक बंधनकारक आसतली आनी फुडे वाटपाची विनोवण करपाक मेळची ना. फुडें, तात्पुरतो वेंचून आयिल्लो उमेदवार बँके कडल्यान नेमणुकेची ऑफर घेना जाल्यार ताची उमेदवारी/ प्रक्रिया खातीर संद जप्त करतलो.
नेम आनी अटी, सत्यापना खातीर औपचारिकताय, कामार रूजू जावप आदी सयत नेमणुकेची ऑफर जारी करप हो फकत बँकेचो निर्णय आसा आनी तो निमाणो आनी बंधनकारक आसतलो.

माजी सैनिकांक लागू आशिल्ल्या प्रमाण एससी, एसटी, ओबीसी, ईडब्ल्यूएस, पीडब्ल्यूबीडी प्रमाणपत्रां, प्रोफॉर्मा ए, बी, सी, डी बँकेच्या संकेतथळ www.centralbankofindia.co.in वयल्यान डावनलोड करूं येता. ह्या वर्गांतल्या उमेदवारांनी फकत त्या स्वरूपांत खरपणान प्रमाणपत्रां सादर करचीं पडटली.
**कामार रूजू जावचे वेळार/ दस्तावेज सत्यापना वेळार उमेदवारान ज्या बँकेंत उमेदवार तात्पुरती वेंचून काडला, त्या बँकेन विनोवणी केल्ल्या कागदपत्रां भायर सकयल दिल्ले वैध विधीन थारायिल्ले दस्तावेज सादर करचे पडटले.**
**वैध कागदपत्रां नासत जाल्यार उमेदवारांची उमेदवारी रद्द करतले. सकयल सांगिल्ले सगळे कागदपत्र/ प्रमाणपत्र दिल्ल्या निर्देशा प्रमाण बँकेक सादर करचे पडटले.**

**<u>8. रुजू जावचे वेळार/ दस्तावेज सत्यापन करपाच्या वेळार दिवपाच्या दस्तावेजांची वळेरी (लागू आशिल्ल्या प्रमाणें)</u>**

उमेदवाराची पात्रताय आनी वळख हांच्या आदारान मूळ आनी **<u>स्वता प्रमाणीत केल्ल्या छायाप्रतींनी</u>** सकयल दिल्ले दस्तावेज सामील जावपाच्या/दस्तावेज सत्यापनाच्या वेळार अनिवार्यपणान सादर करपाचे आसात. उमेदवारान सामील जावपाच्या वेळार/दस्तावेज सत्यापनाच्या वेळार गरजेचे कागदपत्र सादर करूंक नाशिल्ल्यान ताची उमेदवारी आडखळ येतली.
(i) सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी 2024-25 च्या भरती खातीर नोंद जाल्ल्या ऑनलायन अर्ज फॉर्माचें वैध प्रणालीन काडिल्ली प्रिंटआउट.
(ii) जल्म तारखेचो पुरावो (सक्षम प्राधिकरणांनी जारी केल्लें जल्म प्रमाणपत्र वा जल्म तारीख आशिल्ले एसएससी/ धाव्वी परिक्षेचे प्रमाणपत्र).
(iii) अधिसुचोवणेंत नमूद केल्लो प्रमाण फोटो वळख पुरावो.

(iv) 31.03.2023 दिसा वा ताचे आदीं निकाल जाहीर केल्या खातीर, मंडळ / विद्यापिठा कडल्यान एसएससी/10 वी पास/ वा समतुल्य पात्रताय आदी खातीर मार्क-शीट आनी प्रमाणपत्रांचें योग्य दस्तावेज सादर करचें पडटले.
(v) एससी / एसटी / ओबीसी/ईडब्ल्यूएस वर्गाच्या उमेदवारांच्या बाबतींत भारत सरकारान थारायिल्ल्या प्रमाण सक्षम प्राधिकरणान जारी केल्लें जाती प्रमाणपत्र (जाति वैधताय प्रमाणपत्रा वांगडा, जंय लागू जाता थंय).
**हेर मेगास वर्गांतले पूण क्रीमी लेयरातल्यान येवपी आनी/वा तांच्या जातीक मुखेल वळेरेंत सुवात ना जाल्यार उमेदवारांक हेर मागास वर्गीयांच्या आरक्षणाचो हक्क ना. तांणी ऑनलायन अर्जांत आपलो वर्ग सामान्य असो दाखोवचो.**
(vi) आर्थिक नदरेन दुबळ्या वर्गांतल्या उमेदवारांच्या बाबतींत भारत सरकारान विधीन सांगिल्ल्या प्रमाणें खंयच्याय एका प्राधिकरणान जारी केल्लें उत्पन्न आनी मालमत्ता प्रमाणपत्र.
(vii) बेंचमार्क अपंगत्व वर्ग आशिल्ल्या व्यक्तींच्या बाबतींत जिल्लो वैजकी मंडळान विधी जारी केल्ल्या स्वरूपांतले अपंगत्व प्रमाणपत्र
(viii) आरपीडब्ल्यूडी कायदो, 2016 च्या कलम 2 (एस) व्याख्ये खाला आस्पाव केल्ल्या पूण उल्लेख केल्ल्या कायद्याच्या कलम 2 (र) व्याख्ये खाला आस्पाव नाशिल्ल्या विशिश्ट अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या बाबतींत, म्हळ्यार व्यक्ती 40 % परस उणे अपंगत्व आनी बरोवपाक अडचण आसप,जाका लागून संबंदीत व्यक्तीक बरोवपाक मर्यादा आसा आनी परिशिश्ट I कांत दिल्ल्या प्रोफॉर्मा प्रमाण सरकारी भलायकी जतनाय संस्थेच्या सक्षम वैजकी प्राधिकरणांतल्यान ताचे वतीन परिक्षा बरोवपा खातीर बरोवपी गरजेचो आसा हे सांगपी प्रमाणपत्र.
(ix) उमेदवारान ऑनलायन परिक्षेच्या वेळार बोरवप्याची सेवा वापरल्या जाल्यार विधीन थारायिल्ल्या स्वरूपांत लेखकाचो वेवस्थीत भरिल्लो तपशील.
(x) **माजी सैनिक उमेदवार:**
अ) सशस्त्र दळांतल्यान सुटका/ निवृत्त जाल्ल्या उमेदवारांनी प्रोफॉर्मा अ प्रमाण प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें. अशा माजी सैनिक उमेदवारांनी डिस्चार्ज प्रमाणपत्राची प्रत / पेन्शन फारीकणी आदेशाची प्रत आनी निमाणे / सध्या आशिल्ल्या पदाचे ( आदीं आशिल्ल्या तशेंच आतां आशिल्ल्या) दस्तावेजी पुरावे रुजू जावच्या वेळार सादर करचे पडटले.
ब) जे उमेदवार अजून सशस्त्र दळांत आसात आनी माजी सैनिक वर्गा खाला अर्ज करपाक सेदतात तांणी सक्षम प्राधिकरणांतल्यान प्रोफॉर्मा बी सादर करचो, तातूंत आपली विशिश्ट इंगेजमेंट काळ (एसपीई) पुराय करपाची तारीक दाखोवन प्रोफॉर्मा सींतल्या घोशणा वांगडा सादर करचो. ज्या उमेदवारांचो एसपीई 31.03.2024 दिसा वा ताचे आदीं पुराय जाला ते अर्ज करपाक पात्र आसात. अशा उमेदवारांक भारत सरकाराच्या नेमा प्रमाण माजी सैनिकांक मान्य फायदे मेळपाचो हक्क आसा अशें उमेदवाराची मुक्ती पत्र आनी स्वताची घोशणा सादर करची पडटली.
(ग) ज्या उमेदवारांनी आपलो सुरवातीचो नेमणूक काळ पुराय केला आनी जे विस्तारीत नेमणुकेचेर आसात तांकां प्रोफॉर्मा डी प्रमाण प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें.
(घ) सेवेत आसताना मरण पाविल्ल्या सैनिकाच्या आश्रितांक वा खर अपंगत्व आशिल्ल्यांक, आपूण सेवेत आसताना मरण पाविल्ल्या सैनिकाचो आश्रित वा खर अपंगत्व आशिल्लो अशें दाखोवपी समाधानकारक दस्तावेजी पुरावे तशेंच शिथिलतायेचो फायदो माजी सैनिकांच्या एका आश्रितान घेतला वा सेवेत आसताना मरण पाविल्ल्या सैनिकाच्या खंयच्याच आश्रितान वा खर अपंगत्व आशिल्ल्या वापरूक ना अशें सांगपी प्रतिज्ञापत्र.
(xi) सरकारी / अर्द सरकारी कार्यालयांनी/ भौशीक क्षेत्रांतल्या उपक्रमांनी (राष्ट्रीयकृत बँक आनी अर्थीक संस्थां सयत) सेवा दिवपी उमेदवारांनी सामील जावपाच्या वेळार/ दस्तावेज सत्यापनाच्या वेळार, गैरहाजेरींत, आपल्या मूळ नियोक्त्या कडल्यान "हरकत ना प्रमाणपत्र" सादर करचें पडटलें, जर सादर करपाक जमले ना जाल्यार उमेदवाराची उमेदवारी विचारांत घेवचें ना तशेंच हेर तरेन मान्य जाल्लो प्रवास खर्च, आसल्यार, फारीक करचें नात.
(xii) "विधवा, घटस्फोट घेतिल्लीं बायलां आनी आपल्या घोवा पासून कायदेशीर रितीन वेगळीं जाल्लीं बायलां जीं परत लग्न जावंक नात" ह्या कलमा खाला पिरायेच्या शिथीलताये खातीर पात्र व्यक्तींनी घोवाचें मरण प्रमाणपत्र/ घटस्फोट वा न्यायालयीन वेगळेपणाच्या आदारान कागदपत्रां आनी प्रतिज्ञापत्र/ घोशणापत्र सादर करचें पडटलें जातूंत ती परत लग्न जाल्ली नात अशें घोशित केलां.
(xiii) अणभव प्रमाणपत्रां, आसल्यार.
(xiv) 4 (अ) च्या (ii), (iii), (iv) आनी (v) वर्गांत येवपी व्यक्तींनी भारत सरकारान जारी केल्लें पात्रतायेचें प्रमाणपत्र सादर करचें.
(xv) पात्रतेच्या आदारान हेर खंयचेय संबंदीत दस्तावेज.
**नोंद घेवची: -**
1. वयर सांगिल्ले प्रमाण संबंदीत पात्रताय दस्तावेज सादर करूंक ना जाल्यार उमेदवारांक बँकेंत रुजू जावपाक मेळचें ना.
2. रुजू जावपाच्या वेळार/दस्तावेज सत्यापनाच्या वेळार संबंदीत पात्रताय दस्तावेज सादर करूंक ना जाल्यार सफाय कर्मचारी सह उपकर्मचारी आनी/वा उपकर्मचारी 2024-25 भरतीच्या फुडले प्रक्रिये खातीर उमेदवाराक अयोग्य थारायतले.
3. उमेदवारांनी खंयचेच कागदपत्र थेट बँकेत धाडचे न्हय.

**9. वळख सत्यापन करप**

**i. कागदपत्रां जी सादर करची पडटली**

